०१.०९.२०२६ सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग - राष्ट्रीय खबरो दिता

मुखेल खबरो

1. किर्गिस्तानाची राजधानी बिश्केकांत आयज शांघाय सहकार संघटनेच्या म्हळ्यार एससीओच्या 26व्या शिखर सभेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उलोवप करतले.
2. आयज अमेरिकेंतल्या ॲशव्हिल शारांत जाल्ले जी-20 अर्थमंत्री आनी मध्यवर्ती बँकेच्या गव्हर्नर्सच्या दोन दिसांच्या बसकेंत भारत वांटो घेता.
3. जल शक्ति मंत्रालय आयज नवी दिल्लींत दोन दिसांची क्षेत्रीय शिखर परिशद घडोवन हाडटा.
4. संवसारीक बँकेन स्थापन केल्ल्या लवाद न्यायालयान सिंधू उदका कबलाती संबंदीं दिल्लो निकाल भारतान पुरायपणान न्हयकारला.
5. देशांतल्या चिप उत्पादन पर्यावरण प्रणालीक चालना दिवपा खातीर सरकारान 1.27 लाख कोटी रुपया खर्च करून सेमीकॉन 2.0 येवजणेची अधिसुचोवणी केल्या.

किर्गिस्तानाची राजधानी बिश्केकांत आयज शांघाय सहकार संघटनेच्या म्हळ्यार एससीओच्या 26व्या शिखर सभेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उलोवप करतले. शांघाय सहकार संघटनेच्या स्थापनेच्या 25व्या वर्सांचो उत्सव मनोवपा खातीर ही शिखर परिशद घडोवन हाडल्या. हे संस्थेचे धा वांगडी देश आसात, तातूंत चीन आनी रशिया हांचो आस्पाव जाता. भारत 2017 वर्सा सावन हे संस्थेचो पुराय वांगडी आसा.समितींतल्या आपल्या उलोवपात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सुरक्षा, जोडणी आनी संद ह्या मळार भारताच्या प्राधान्यांचेर भर दितले. आतंकवाद, आनी अतिरेकी विचारसरणी हांचे आड झुजांत भारतान ड्युअल ट्रॅक धोरणाक सातत्यान विरोध केला. वांगडी देशांमदीं जोडणी वाडप हें ह्या वाठारांत शांतताय आनी समृध्दी खातीर गरजेचें अशें भारत मानता.

आयज अमेरिकेंतल्या ॲशव्हिल शारांत जाल्ले जी-20 अर्थमंत्री आनी मध्यवर्ती बँकेच्या गव्हर्नर्सच्या दोन दिसांच्या बसकेंत भारत वांटो घेता. केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण करता.  अमेरिकेच्या जी-20 संघटनेचे अध्यक्षतेखाल

जावपी हे बसकेंत संवसारीक अर्थीक वाड, अर्थीक स्थिरताय, वाडपी रिण, वेपार, गुंतवणूक आनी आंतरराष्ट्रीय अर्थीक वेवस्थेंत सुदारणा हांचेर भर दिला. वाढत्या जागतिक रिणाचो फुडो करपा खातीर चड घटमूट वाड, उच्च गुंतवणूक आनी बरी उत्पादकता हांची गरज आशिल्ल्याचे अमेरिकेचे ट्रेझरी सचिव स्कॉट बेसेंट हांणी अधोरेखित केला. उदेत्या अर्थवेवस्थेच्यो गरजो उजवाडावपा खातीर आनी टिकावू उदरगत, वेपार आनी गुंतवणूक वाडोवपा खातीर भारत हे बसकेचो उपेग करता. तशेंच जी-20 देशां कडेन अर्थीक संबंद घटमूट करपाचो आनी भारताक उत्पादन, तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माणाचें मुखेल केंद्र म्हूण प्रकल्प करपाचो नवी दिल्लीचो हेत आसा. काल बसकेच्या पयल्या दिसा रशियेच्या सहभागाक लागूनय मतभेद निर्माण जालो.

सहकारी संघराज्यवाद घटमूट करपा खातीर, राष्ट्रीय प्राधान्यांचेर सामुहीक मालकी वाडोवपा खातीर आनी केंद्र आनी राज्यां मदल्या लागींच्या सहकार्यान परिणामांक गती दिवपा खातीर जल शक्ति मंत्रालय आयज नवी दिल्लींत दोन दिसांची क्षेत्रीय शिखर परिशद घडोवन हाडटा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी एक अभिनव माची म्हूण कल्पना केल्ल्या क्षेत्रीय शिखर सभेच्या माळेंतलें हें पयलें. दोन दिसांच्या शिखर सभेंत उदकाच्या मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांची वेळार अंमलबजावणी करप, जल संचय जन भागीदारी, पिवपाच्या उदकाची वेवस्था स्त्रोत टिकावूपण आनी जल जीवन मिशन 2.0 खाला ग्रामीण पिवपाच्या उदका पुरवण येवजणेचें संचालन आनी देखरेख अशे चार मुखेल विशयांचेर भर दितले.

राष्ट्रपतीं द्रौपदी मुर्मू हाणी कापड क्षेत्र हो भारताच्या सांस्कृतीक दायजाचो म्हत्वाचो भागच न्हय तर लाखांनी लोकांक उदरनिर्वाहाची वेवस्था करता अशें काल सांगलें. नॅशनल इन्स्टिटट्यूट ऑफ फॅशन टेक्नॉलॉजी nift च्या दीक्षांत सुवाळ्यांत उलोवप करतना राष्ट्रपती मुर्मू हांणी विद्यार्थ्यांक देशांतल्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजांत आनी मुल्यांत रुजून उरपी सखोल नदर आपणावपाचो उलो मारलो. फॅशन उद्देगांत बायलांच्या वाडट्या भुमिकांचेर भर दितना राष्ट्रपतींनी , ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ल्या सुमार चार हजार विद्यार्थ्यां मदल्यो सुमार 85 टक्के विद्यार्थी बायलां आसात अशे नोंद केलें.

संवसारीक बँकेन स्थापन केल्ल्या लवाद न्यायालयान सिंधू उदका कबलाती संबंदीं दिल्लो निकाल भारतान पुरायपणान न्हयकारला. न्यायालयाचो अधिकारक्षेत्र न्हयकारून भारतान हो निर्णय कायदेशीर रितीन अवैध थारायला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत विदेश वेव्हार मंत्रालयान स्पश्ट केलां की भारतान ह्या लवाद समितीक केन्नाच मान्यताय दिवंक ना, ताच्या कार्यवाहींत वांटो घेतलो ना आनी ह्या समितीच्या निर्णयांचे पालन करपाक बांदिल ना. सध्या सिंधू उदका कबलात स्थगीत स्थितींत आसा अशीय भुमिका भारतान परतून सांगली.

देशांतल्या चिप उत्पादन पर्यावरण प्रणालीक चालना दिवपा खातीर सरकारान काल 1.27 लाख कोटी रुपया खर्च करून सेमीकॉन 2.0 येवजणेची अधिसुचोवणी केल्या. हाचे वांगडा फुडल्या कांय वर्सांत संवसारीक अर्दवायू उद्देगाच्या बाजारांत भारताचो सुमार 10 टक्के वांटो आसूं येता आनी संवसारीक अर्दवायू मोल साखळींत ताची मुखेल भुमिका जावपाची आसा अशें केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना सांगलें.

नेपाळांतल्या त्रिशूली-3ए जलविद्युत प्रकल्पाच्या सुवातेर चिखलान भरिल्ल्या बोगद्यांत आडखून पडपी 600 वयर कामगारांक वाकोवपाखातीर बचाव पंगड खर यत्न करतात. हे पंगड स्फोटक पदार्थ, जड यंत्रां आनी हवेचे पंप वापरून बोगदे निवळ करतात आनी जिवंत उरिल्ल्या लोकांचो सोद घेतात. नेपाळाच्या आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाच्या म्हणण्या प्रमाण मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो णवशे एकोणचाळीस जाला आनी ३ हजार ९२५ लोक बेपत्ता जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया. ह्या आंकड्यांत ५९२ परकी नागरिकांचो आस्पाव आसा. आतां मेरेन जलविद्युत प्रकल्पाच्या सुवातेर दोनशे एकोणऐंशी व्यक्तींक वाचयल्यात, जाल्यार देशभरांतल्या 11 हजारां परस चड लोकांक सुरक्षीतपणान भायर काडल्यात. ह्या बचाव कार्यावळींत भारत, दक्षिण कोरिया आनी ऑस्ट्रेलियांतल्या तज्ञां वांगडा नेपाळ आनी चीनांतल्या लश्करी पंगडाचो आसपाव आसा. खर हुंवार आनी भूंयकांपाक लागून पुरलेले बोगदे बचाव पंगडांक आव्हानात्मक थारलां.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी उत्तर प्रदेशातल्या कौशांबी जिल्ह्यात जाल्ल्या अपघातातल्या जीवितहानीविशी दुःख उक्तायला. सोशल मीडियार एका पोस्टात त्यांनी या दुर्दैवी घटनेत प्राण वगडायल्यांच्या कुटुंबीयांविशी शोकसंवेदना व्यक्त केल्या. तशेच, राष्ट्रपती मुर्मूनी जखमीं बेगीनात बेगीन बरे जावपाक प्रार्थनाय केली.

भारत सरकार नेपाळातल्या बाधित भागात मदत पावोवपाक सगळे तरचे प्रयत्न करता आणि रेल्वे विभागय या प्रयत्नांचो एक भाग आसा अशे 'नेपाळगंज रोड-नानपारा-बहराइच' रेल्वे मार्गाचे आभासी म्हळ्यार व्हर्च्युअल पद्धतीन उक्तावण करताना केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगले. रेल्वे अधिकारी जिल्लो आनी राज्य प्रशासन तसेच विदेश वेव्हार मंत्रालयाच्या समन्वयान सातत्यान काम करता, जंय जंय वाटावलेले प्रवासी पावल्यात, तांका त्यांच्या फाव त्या सुवातेर पावोवपाक मदत करपाक रेल्वेन सेगीत प्रयत्न केल्या अशे सांगुन केंद्रीय रेल्वे मंत्र्यांनी माहिती दिली की, या नवीन रेल्वे मार्गाच्या सुरू जाल्यान प्रवाशांक अधिक सोयीस्कर येरादारी सुविधा मेळतलीआणि प्रादेशिक संपर्क आनी विकासाक चालना मेळतली.

भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढांत खूब व्हड ते उटंगाराचो पावस पडपाचो रेड अलर्ट ज्यारी केला. तशेंच आयज हिमाचल प्रदेश, बिहार, उदेंत मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश, झारखंड, ओडिशा, उत्तराखंड आनी उत्तर-उदेंत भारताच्या कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.